Panaji National News

17 May 2026,6.30pm

## घरमंत्री

केंद्रीय घरमंत्री आनी सहकार मंत्री अमित शाहा हाणी ए आय आनी डीप टेक, हे फुडाराचे अर्थवेवस्थेचे मुखेल खांब अशें म्हणलां. गुजरातांतल्या अहमदाबाद शारांत आयज 'मिलियन माइंड्स टेक पार्क-फेज 1' आनी 'ग्रेमी सिटी कॅम्पस' हांचें उक्तावण करतना ते उलयताले. दोन दिसांच्या गुजरात भेटीचेर आशिल्ले श्री शाह आयज गांधीनगरांतल्या नॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ डिझायनाच्या इनोव्हेशन अँड इनक्युबेशन सेंटराचेंय उक्तावण करतात . तशेंच गांधीनगर पालिका म्हामंडळाच्या वेगवेगळ्या उदरगतीच्या वावरांचें उक्तावण करून तानी बुन्याद फातर घातले. गांधीनगर जिल्लो सहकारी दुद उत्पादक संघ लिमिटेड, मधुर डेरीच्या नव्यान बांदिल्ल्या पांच लाख लिटर क्षमतेच्या संयंत्राचें ते उक्तावण करतले.

## अश्विनी वैष्णव

केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी आयज बेंगळुरू आनी मुंबय हांचे मदीं सुरु केल्ल्या नव्या एक्सप्रेस रेल्वे सेवेक बावतो दाखयलो . ह्या रेल्वेक लागून कर्नाटक आनी महाराष्ट्र हांचे मदीं रेल्वे संपर्क वाडलो. ह्या वेळार उलयतना श्री वैष्णव हांणी सांगलें, दक्षिण आनी उत्तर कर्नाटकांतल्या लोकांची बऱ्याच काळासावन प्रलंबीत आशिल्ली मागणी आतां पुराय जावपाक लागल्या. तशेंच बेंगळुरू आनी मुंबय हांचे मदीं वंदे भारत स्लीपर सेवा बेगीन सुरू जावपाची शक्यताय आसा अशें तांणी जाहीर केलें.

## राम मोहन नायडू

नागरी हवाई येरादारी मंत्री राम मोहन नायडू हाणी आयज, दिल्ली सरकारान हवाई टर्बाइन इंधनावयलो मूल्यवर्धित कर (व्हॅट) २५ टक्क्यांवयल्यान ७ टक्क्यांमरेन उणो करपाचो वेळार निर्णय घेतलो म्हण सरकारचे कौतुक केले. सोशल मीडिया पोस्टत , श्री. नायडू हाणी म्हटला की, हवाई वाहतूक क्षेत्र जागतिक पावडयचेर परिचालन आनी खर्चाच्या दबावाक तोंड दित आसा. अशा वेळर राज्य सरकारान उख्लील्ले अशे सक्रिय पावल विमान कंपन्यांक खूप गर्जेचो आधार दितले . आणि प्रवाशांक विमान प्रवास परवडपी करपाक मजत करतले..

## प्रल्हाद जोशी

केंद्रीय नवीकरणीय उर्जा मंत्री प्रल्हाद जोशी हांणी सांगला कि , भारतान आतां एकाच दिसांत 256.4 गीगावॅट ह्या विक्रमी चडांत चड वीज मागणीचे येसस्वीपणान वेवस्थापन केल्या. एका खबरां दिसाळया कडेन केल्ल्या संवादांत श्री जोशी हांणी सांगलें, सुमार 33% वीज मागणी नवीकरणीय उर्जा स्त्रोतां वरवीं पुराय जाता. भारताची वीज मुळावी बांदावळ घटमूट, लवचीक आनी फुडारा खातीर तयार जाल्या अशें तांणी सांगलें. उर्जा क्षमतायचो नेटान विस्तार, ग्रिड घटमूट करप आनी देशाच्या वाडीच्या प्रवासाक उर्जा दिवपाक निवळ उर्जेचें वाडत वचपी योगदान हें बदल दाखयता अशें मंत्री जोशी हांणी सांगलें.

## त्रिवेंद्रम

त्रिवेंद्रम-नवी दिल्ली राजधानी एक्सप्रेसाच्या फाटल्या दोन डब्यांच्या उज्याच्या घडणुकेची उंचेल्या पांवड्यावेली चवकशी करपाचो आदेश रेल्वे मंत्रालयान दिला. आयज सकाळीं सुमार 5:15 मिनटाचेर कोटा विभागाच्या नागदा लागसारच्या त्रिवेंद्रम-नवी दिल्ली राजधानींत फाटल्यान दोन डब्यांनी उजो लागलो, तातूंत एक गार्ड कोच आनी एक एसी 3 टायर आशिल्लो. डब्यांतली सुरक्षेची वेवस्था रोखडीच काम करताली, आनी गाडी आपोआप थांबयली अशें मंत्रालयान सांगलां. रेल्वेच्या कामगारांनी बेगोबेग फाटले दोन बाधित डबे वेगळे केले आनी हे घडणुकेंत खंयच्याच प्रवाशाक दुखापत जावंक दिउंक ना.

**बॅडमिंटन**

बॅडमिंटन सर्तींत , भारताच्या श्रीयांशी वलिशेट्टीन आयज चीनात बाओजी चायना मास्टर्स सर्तींत बायला एकेरीचे रुप्या पदक जीखला . बाओजी सिटी जिम्नॅशियम हांगा जाल्या सुपर 100 सर्तीचा निमान्य सामन्यांत , तिका थळवी खेळगडी आन ची युआन ह्रिणी 14-21, 6-21 अशी हारयली .

**हवामान**

भारतीय हवामान खात्यान अंदमान आनी निकोबार जुंवे, उपहिमालयन अस्तंत बंगाल, आनी सिक्किम हागा सुवातेर पावस पडपाचो अजमास आशील्ल्यान orange alert जारी केल्या. हवामान एजन्सी कडल्यान आयज अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय, दक्षिण कर्नाटक, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, केरळ, माहे, लक्षद्वीप ह्या वाठारांनी व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास काडला.फुडले दोन दीस बिहार, छत्तीसगढ, झारखंड, मध्य महाराष्ट्र, मराठवाडा, ओडिशा, आनी रायला सीमा, दर्यादेगेवेल्या आंध्र प्रदेश, तेलंगणा, कोंकण, गोंय, उत्तराखंड, हिमाचल प्रदेश, आनी ईशान्य राज्यांचेर जोगला आनी वादळी वाऱ्या वांगडा गडगड येवपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.